गोंय लोक सेवा आयोग

ईडीसी हावस, ब्लॉक 'सी',1 लो माळो, दादा वैद्य मार्ग, पणजी - गोंय, 403001.

संकेतथळः http://gpsc.goa.gov.in

जायरात क्रमांक 2 वर्स 2018

सकयल दिल्ल्या पदां खातीर ऑनलायन अर्ज मागयतात. अर्ज भरपाची निमाणी तारीख 23.02.2018 आसा. ऑनलायन अर्ज भरचे पयलीं , उमेदवारांनी आयोगाच्या संकेतथळार उपलब्ध आशिल्ल्यो "सुचोवण्यो" जतनायेन वाचच्यो.

2. वेवसायीक महाविद्यालयां, भलायकी सेवा संचालनालयांत सल्लागार आनी वरिश्ठ तंत्रिकी विज्ञानीक पदां खातीर , कोंकणीचें गिन्यान आशिल्ले योग्य उमेदवार उपलब्ध नासल्यार , हेर तरेन योग्य आशिल्ल्या उमेदवारांची शिफारस गोंय लोक सेवा आयोग करूंक शकता आनी ही अट सदळ करप गरजेचें वा ताकतिकेचें अशें सरकाराचें मत आसल्यार , गोंय लोक सेवा आयोगाचे शिफारसीचेर सरकार ही अट सदळ करूंक शकता.

3. विहीत शिक्षणीक पात्रताय ही फकत किमान पात्रताय आसा आनी फकत ही पात्रताय आसली म्हूण उमेदवार मुलाखतीक आपोवपाक पात्र आसतलेच अशें ना. अर्जांची संख्या चड आसल्यार, **"सुचोवण्यांत"** नमुद केल्ल्या प्रमाणें आयोग मुलाखतीक आपोवंक उमेदवारांची लघू वळेरी तयार करतले.

## I. गोंय वैजकी महाविद्यालय

### 1. अस्थिरोग चिकित्सेंत सहयोगी प्राध्यापक ( Associate Professor in Orthopaedic Surgery) .... 1 पद

**वेतन श्रेणी:** रु. 15,600-39,100+6600/- (पूर्व-सुदारीत)(सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 11 प्रमाणें)

**पिराय:** 45 वर्सां परस उणी

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यक:** (i) भारतीय वैजकी मंडळ कायदो , 1956 चे पयले वा दुसरे वळेरींत वा तिसरे वळेरीच्या भाग II (सनद पात्रताय सोडून) हातूंत आसपावीत केल्ल्या प्रमाणें मान्यताय प्राप्त वैजकी पात्रताय. तिस र्या परिशिश्टाच्या भाग II प्रमाणें शिक्षणीक पात्रताय आशिल्ल्यांनी भारतीय वैजकी मंडळ कायदो , 1956 च्या कलम 13 पोट-कलम (3) त दिल्ल्यो अटी पुराय करूंक जाय. ( ii) संबंदीत खासा विशेशतायेंत वा तत्सम हातूंतल्यान पदव्युत्तर पदवी.

(iii) आवश्यक पदव्युत्तर पदवेची पात्रताय मेळयल्या उपरांत वैजकी महाविद्यालय/शिक्षणीक संस्थेंत सहाय्यक प्राध्यापक म्हूण संबंदीत विशेशतायेंत उण्यांत उणो तीन वर्सांचो अणभव आसूंक जाय. (iv) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक:** मराठीचें गिन्यान.

**2. गुंगीशास्त्रांत सहाय्यक व्याख्यातो (अति दक्षताय विभाग) ( Assistant Lecturer in Anaesthesiology)(ICU) .... 1 पद (हेर मागास वर्गींयां खातीर राखीव)**

**वेतन श्रेणी:** रु. 15,600-39,100+5400/- (पूर्व-सुदारीत)(सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 11 प्रमाणें)

**पिरायः** 45 वर्सां परस उणी

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:**

**आवश्यक:** (i) भारतीय वैजकी मंडळ कायदो , 1956 चे पयले वा दुसरे वळेरींत वा तिसरे वळेरीच्या भाग II (सनद पात्रताय सोडून) हातूंत आसपावीत केल्ल्या प्रमाणें मान्यताय प्राप्त वैजकी पात्रताय. तिस र्या परिशिश्टाच्या भाग II प्रमाणें शिक्षणीक पात्रताय आशिल्ल्यांनी भारतीय वैजकी मंडळ कायदो , 1956 च्या कलम 13 पोट-कलम (3) त दिल्ल्यो अटी पुराय करूंक जाय. (ii) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक:** (i) संबंदीत विशेशतायेंत पदव्युत्तर पदवी खातीर नोंद. (ii) मराठीचें गिन्यान.

## II. उच्च शिक्षण संचालनालय

**3. गोंय गृह विज्ञान महाविद्यालयांत प्राचार्य ...... 1 पद**

**वेतन श्रेणी:** रु. 37,400-67,000+10,000/- + विशेश भत्तो रु. 2000 (पूर्व-सुदारीत)

**पिरायः** 50 वर्सां परस उणी

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:**

**आवश्यक:** ( i) मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांतल्यान उण्यांत उणे 55 टक्के गूण मेळयल्ली संबंदीत/तत्सम/संबंदीत विशयांतली मास्टर पदवी आसूंक जाय (वा जंय श्रेणी पद्दत मानतात थंय गूण श्रेणींत तत्सम श्रेणी). ( ii) प्रकाशीत काम आनी संशोधन मार्गदर्शका सयत संबंदीत संस्थेंत संबंदीत/तत्सम/संबंदीत विशयांतली पीएच. डी. पदवी आसूंक जाय. ( iii) विद्यापिठां, महाविद्यालयां आनी उच्च शिक्षण संस्थांनी शिकोवप/संशोधन/प्रशासनांत सहयोगी प्राध्यापक/प्राध्यापक म्हूण एकूण पंदरा वर्सांचो अणभव आसूंक जाय. ( iv) विद्यापीठ अनुदान आयोग (उच्च शिक्षणांत दर्जो सांबाळपा खातीर विद्यापिठां आनी महाविद्यालयां आनी हेर संस्थांनी शिक्षक आनी हेर शिक्षणीक कर्मचारी नेमूंक लागपी उण्यांत उणी पात्रताय) नियमन , 2010 तल्या परिशिश्टाच्या I ते IX तकट्यांत थारयल्ले प्रमाणें , शिक्षणीक कामगिरी दर्शक (एपीआय) आदारीत कामगिरी आदारीत मूल्यांकन पद्दतींत (पीबीएएस) निर्धारीत केल्ले

उण्यांत उणे गूण मेळोवंक जाय. ( v) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय. ( vi) राज्यांत उण्यांत उणो पंदरा वर्सांचो अधिवास आसूंक जाय.

**टीपः** “संबंदीत विशय म्हणल्यार, कला, विज्ञान, वाणिज्य, गृह विज्ञान आनी भारतीय शास्त्रीय संगीत (गायन वा वाद्य संगीत)”.

**ऐच्छिक:** (i) मराठीचें गिन्यान.

## III. गोंय वास्तुशास्त्र महाविद्यालय

**4. प्राचार्य** …… **1 पद (दुसरे फावट)**

**वेतन श्रेणी:** रु. 37,400-67,000+10,000/- (पूर्व-सुदारीत) (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 14 प्रमाणें + दर म्हयन्याक रु. 3000 चो विशेश भत्तो)

**पिरायः** 50 वर्सां परस उणी

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:**

**आवश्यक:** (i) वास्तुशास्त्र ह्या विशयांत बॅचलर्स आनी मास्टर्साची प्रथम श्रेणीची वा तत्सम पदवी, खंयचीय बॅचलर्स वा मास्टर्स पदवी आसूंक जाय. ( ii) योग्य त्या क्षेत्रांत पीएच. डी. वा तत्सम आसूंक जाय. ( iii) शिकोवप / संशोधन / वेवसाय हातूंत उण्यांत उणो 10 वर्सांचो अणभव, तातूंत 3 वर्सांचो प्राध्यापक स्तराचो अणभव आसूंक जाय. वा (iii) शिकोवप आनी/वा संशोधन आनी/वा वेवसाय हातूंत उण्यांत उणो 13 वर्सांचो अणभव आसूंक जाय.

**टीपः** (1) संशोधन अणभव आसल्यार , बरी शिक्षणीक कामगिरी आनी पुस्तक / संशोधन पेपर प्रकाशन / बौध्दीक मालमत्ता अधिकार / पेटण्ट्स हातूंत निवड समितीच्या तज्ञ वांगड्या वरवीं मानद योग्यतायेची आवश्यकता जाय.

जरी उद्देगीक अणभव विचारांत घेतल्यार , ते निवड समितीच्या तज्ञ वांगड्या वरवीं मानद योग्यताय आशिल्ल्या योजनाबद्ध / आरेखन, उदरगत, योजना, कार्यपालन, विश्लेशण, गुणवत्ता नियंत्रण, नविनीकरण, प्रशिक्षण, तकनिकी पुस्तकां / संशोधन पेपर प्रकाशन / बौध्दीक मालमत्ता अधिकार / पेटण्ट्स आनी हेर हातूंत सक्रीय वांटो घेतिल्ल्या सयत प्राध्यापक स्तरा समान वेवस्थापकी स्तर आसतले.

**टीपः** (2) वास्तुशास्त्रा संबंदीत , वास्तुशास्त्र मंडळान प्रमाणीत केल्लो 10 वर्सांचो वेवसायीक काम केल्ल्याचो अणभव वैध धरतले.

(iv) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक:** (i) पीएच. डी. च्या विद्यार्थ्यांक मार्गदर्शन आनी पीएच. डी. उपरांतचें प्रकाशन केल्लें आसूंक जाय. (ii) मराठीचें गिन्यान.

**5. वास्तुशास्त्रांत प्राध्यापक ...... 1 पद**

**वेतन श्रेणी:** रु. 37,400-67,000+10,000/- (पूर्व-सुदारीत) (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 14 प्रमाणें)

**पिरायः** 50 वर्सां परस उणी

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रतायः**

**आवश्यक:** (i) वास्तुशास्त्र ह्या विशयांत बॅचलर्स आनी मास्टर्साची प्रथम श्रेणीची वा तत्सम पदवी, खंयचीय बॅचलर्स वा मास्टर्स पदवी आसूंक जाय. ( ii) योग्य त्या क्षेत्रांत पीएच. डी वा तत्सम आसूंक जाय. ( iii) शिकोवप / संशोधन / वेवसाय हातूंत उण्यांत उणो 10 वर्सांचो अणभव तातूंत 5 वर्सांचो सहयोगी प्राध्यापक स्तराचो अणभव आसूंक जाय. वा ( iii) शिकोवप आनी /वा संशोधन आनी/वा वेवसाय हातूंत उण्यांत उणो 13 वर्सांचो अणभव आसूंक जाय.

**टीपः** (1) संशोधन अणभव आसल्यार , बरी शिक्षणीक कामगिरी आनी पुस्तक / संशोधन पेपर प्रकाशन / बौध्दीक मालमत्ता अधिकार / पेटण्ट्स हातूंत निवड समितीच्या तज्ञ वांगड्या वरवीं मानद योग्यतायेची आवश्यकता जाय.

जरी उद्देगीक अणभव विचारांत घेतल्यार , ते निवड समितीच्या तज्ञ वांगड्या वरवीं मानद योग्यताय आशिल्ल्या योजनाबद्ध / आरेखन, उदरगत, योजना, कार्यपालन, विश्लेशण, गुणवत्ता नियंत्रण, नविनीकरण, प्रशिक्षण, तकनिकी पुस्तकां / संशोधन पेपर प्रकाशन / बौध्दीक मालमत्ता अधिकार / पेटण्ट्स आनी हेर हातूंत सक्रीय वांटो घेतिल्ल्या सयत प्राध्यापक स्तरा समान वेवस्थापकी स्तर आसतले.

**टीपः** (2) वास्तुशास्त्रा संबंदीत , वास्तुशास्त्र मंडळान प्रमाणीत केल्लो 10 वर्सांचो वेवसायीक काम केल्ल्याचो अणभव वैध धरतले.

(iv) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक:** (i) पीएच. डी. च्या विद्यार्थ्यांक मार्गदर्शन आनी पीएच. डी. उपरांतचें प्रकाशन केल्लें आसूंक जाय. (ii) मराठीचें गिन्यान.

**6. वास्तुशास्त्रांत सहयोगी प्राध्यापक ....... 3 पदां (1 पद हेर मागास वर्गियां खातीर आरक्षीत)**

**वेतन श्रेणी:** रु. 37,400-67,000+9,000/- (पूर्व-सुदारीत) (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 13 प्रमाणें)

**पिरायः** 45 वर्सां परस उणी

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रतायः**

**आवश्यक:** (i) वास्तुशास्त्र ह्या विशयांत बॅचलर्स आनी मास्टर्साची प्रथम श्रेणीची वा तत्सम पदवी, खंयचीय बॅचलर्स वा मास्टर्स पदवी आसूंक जाय. (ii) योग्य त्या क्षेत्रांत पीएच. डी. वा

तत्सम आसूंक जाय. (iii) शिकोवप / संशोधन वेवसाय हातूंत उण्यांत उणो 5 वर्सांचो अणभव आसूंक जाय.

**टीपः** वास्तुशास्त्रा संबंदीत , वास्तुशास्त्र मंडळान प्रमाणीत केल्लो 5 वर्सांचो वेवसायीक काम केल्ल्याचो अणभव वैध धरतले.

(iv) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक:** (i) पीएच. डी. च्या विद्यार्थ्यांक मार्गदर्शन आनी पीएच. डी. उपरांतचें प्रकाशन केल्लें आसूंक जाय. ( ii) पीएच. डी. पूर्व 2 वर्सां शिकोवप / संशोधन / वेवसाय हातूंत अणभव. (iii) मराठीचें गिन्यान.

**7. वास्तुशास्त्रांत सहाय्यक प्राध्यापक ...... 4 पदां (1 अनुसुचीत जमाती खातीर आरक्षीत आनी 1 हेर मागास वर्गियां खातीर आरक्षीत)**

**वेतन श्रेणी:** रु. 15,600-39,100+6,000/- (पूर्व-सुदारीत) (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 10 प्रमाणें)

**पिरायः** 45 वर्सां परस उणी

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रतायः**

**आवश्यक:** (i) वास्तुशास्त्र ह्या विशयांत बॅचलर्स आनी मास्टर्साची प्रथम श्रेणीची वा तत्सम पदवी, खंयचीय बॅचलर्स वा मास्टर्स पदवी आसूंक जाय. (ii) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक:** मराठीचें गिन्यान.